# भुरग्याक पवित्र पुस्तक

सादर करपी

# जेजू वादळी दर्या स्थीर करता




बरोवपी. :- Edward Hughes

समजावपी :- Janie Forest
Alastair Paterson

बानून घेवपी :- Ruth Klassen

अनुवाद करपी :- सिप्रियानो गोन्सालवीस



सादर करपी :- Bible for Children
www.M1914.org



©2024 Bible for Children, Inc.
लायसन्स विकीना तो परान कापी करपाची आनी प्रींट करपाचो आधिकार आसा.


देवाच्या भासेन बरोयलेली काणी तुमका उजवाड दितली.





जेजू आनी ताचे शिश्य बोटींत आसतना व्हडलें वादळ आयलें. गलील दर्या रागान भरिल्लो दिसतालो. अशा प्रकारच्या वादळाक लागून, बोट मोडून बुडून वचूं येता.

वादळाक लागून शिश्यांक भंय दिसलो. ल्हारांनी बोटींत उदक भरले. पूण जेजू बरो वादळांत न्हिदिल्लो. शिश्यांनी जेजूक जागो केलो, “गुरू, गुरू, आमी नाश जातात!”



3

“कित्याक भियेतात, तुमी उण्या भावार्थाचे?” जेजून आपल्या शिसांक विचारलें. मागीर जेजून वादळ बंद जावपाक आदन्या दिली . . . आनी . . . जेजून हिंसक ल्हारांक शांत रावपाची आदन्या दिली.



4

आनी वादळ शांत जालें . . . दर्या शांत आनी स्थिर जालो. शिश्यांक आश्चर्य जालें, “हो कोण आसूं येता, वादळ आनी दर्या लेगीत ताचें आदन्या पालन करता!”



5



कांय काळा उपरांत जेजूक आनीक एक व्यस्त दीस आयलो. ५००० वयर लोक ताच्या फाटल्यान एक एकसुरे सुवातेर गेल्ले. देवाच्या बळग्यान जेजून फकत एका ल्हान भुरग्याच्या जेवणाचो वापर करून त्या सगळया लोकांक जेवण दिलें. आतां सांज जाल्ली. जेजून सगळयांक धाडले.

6

शिश्यांक लेगीत वचचें पडलें. जेजून तांकां बोटींत बसून आपल्या मुखार गालील दर्याचे दुसरे वाटेन वचपाक लायले.



7



जेन्ना ताणें सगळयांक धाडले, तेन्ना जेजू एकटोच एका दोंगराचेर मागणें करपाक गेलो. सांज जाली तेन्ना, तो थंय एकटोच आशिल्लो.

8


तळ्याचेर, शिश्य वाऱ्याच्या वादळान सांपडले. ते वरांचीं वरां तारू व्हरत रावले, तरी वादळान तांकां उदका पलतडीं वचपाक आडायलें. शिश्यांक तें कळ्ळें ना, पूण तांकां व्हडलें अजाप जालें!
9


सकाळीं तीन ते स वरां मजगतीं, खंय तरी वाऱ्यान धुमशेण काडिल्ल्या दर्याच्या मदीं, शिश्यांक कितें तरी दिसलें, तें पळयन ते भिलें. “हो एक भूत!” ते रडले. पूण जेजूच, तांचो प्रभु आनी स्वामी, उदकाचेर चलून तांचे कडेन येतालो.
10


“खोशी जायात!” जेजून तांकां म्हणलें. “हांव तो; भियेवं नाकात.” पेद्रून जाप दिली: “प्रभु, तूं आसल्यार, म्हाका उदकाचेर तुज्या कडेन येवपाची आदन्या दि.” देखून जेजून म्हणलें, “ये.” धैरान पेद्रू बोटींतल्यान उदकाचेर देंवलो, आनी जेजू कडेन गेलो.
11


पूण वारें घुंवता तें पळोवन, पेद्रू भियेलो, आनी बुडपाक लागलो. तो रडलो, “प्रभु, म्हाका वाचय!”
12


रोखडोच, जेजून हात वाडयलो आनी पेद्रूक धरलो. “हे उण्या विस्वासाच्या, तुका कित्याक दुबाव आयलो?” ताणें विचारलें. पेद्रू आनी प्रभू जेजू बोटींत बसले, तेन्ना वारें बंद जालें.
13


तेदनां बोटींतल्या लोकांनी येवन जेजूची उपासना केली आनी म्हणलें, “खरेंच तूं देवाचो पूत.”
14

जेजू वादळी दर्या स्थीर करता

देवाच्या उतरांतली, पोवित्र पुस्तोकांतली एक काणी,

आमका मेल्टा

मातेव ८, मातेव १४, मार्क ४, लुकास ८

"तुज्या उतराचो प्रवेश उजवाड दिता"
स्तोत्र 119:130



# शेवट

48 60



हे पवित्र बायबल पुस्तक आमका आजापाचो सुंदर काणीयो सांगता देवाचे जाणे आमका रचल्यात ताका आमका जाणा जावपाक जाय.

देव जाणा आनी जायते वायट करतात ताका आमी पातक म्हणटाट. पातकाक मरण ही शिक्षा, पुण देव आमचो इतको मोग करता ताणे आपल्या एकल्या पुताक धाडलो. जेजु खुरर्सार मेलो, जेजु परत जिवंत जालो आनी सर्गार चडलो. तु तर देवाचेर विशवास दवरता ता`तुजी पातका भगझितली. तो तुमचे सागात रावतालो आनी तुमी ताच्या वागडा सदा काळ.

हे रातभर तुमी सनमानतात जाल्याक देवाक म्हणात मोगाळा जेजु हात सनमानता तु देव आनी आत तु म्हज्या पातका पासान मेलो आनी तु आता जियंत तु म्हज्या जिवितान यो आनी म्हजी पातका भोगस आनी म्हाका नवे जिवित दि
हावे सदाच माग दिवपाक तुजे भुरगे कशे.

पवित्र पुस्तक वाचात आनी दर दिसा देवा कडेन उलयात! जुांव 3:16